# मुख्यमंत्र्यान सर्गेस्त मनोहर पर्रीकरांच्या उगडासाक आर्गां ओपली

ता. 17 मार्च 2025

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी गोंयचे आदले मुख्यमंत्री आनी आदले केंद्रीय संरक्षण मंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या उगडासाक आर्गां ओपली. मुख्यमंत्र्यान आयज सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या पुण्यतिथी दिसा मिरामार हांगाच्या तांच्या स्मृतीथळार सर्गेस्त श्री. मनोहर पर्रीकर हांच्या पुतळ्याक फुलांहार घातले आनी उपरांत समाधीचेर पुष्पांजली ओपली.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. सावंत हांणी म्हणलें, आधुनिक गोंयचें शिल्पकार म्हणून गोंयचे लोक सर्गेस्त श्री. मनोहर पर्रीकर हांचो उगडास करतले. गोंयच्या उदरगती खातीर आनी लोकांक बरे आनी पारदर्शक प्रशासन दिवपा खातीर तांणी तांच्या काळांत अनेक म्हत्वाची पावलां मारली. तांच्या समर्पित वावरा खातीर लोक तांचो सदाच उगडास करतले, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगलें.

मुख्य सचीव डॉ. व्ही. कांडावेलू, उत्तर गोंय जिल्हाधिकारी स्नेहा गीते, दक्षीण गोंय जिल्हाधिकारी इग्ना क्लिटस, श्री. उत्पल पर्रीकर, सरकारी सचीव, अवर सचीव आनी अधिकारी आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

उपरांत मुख्यमंत्र्यान ज्येश्ठ पत्रकार श्रीमती सुहासिनी प्रभूगांवकार हांणी बरयिल्ल्या “व्यक्तित्वां शीमे पलतडची” ह्या कोंकणी पुस्तकाचें विमोचन केले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/236

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.